28TH April 2026 7.25am

गणेश -

शिक्षकांनी विद्यार्थ्यांक आवडी प्रमाण योग्य शिक्षणीक दिका दाखोवपा खातीर मार्गदर्शकाची भुमिका निभावची, अशें आवाहन मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केला. गोंय शालांत मंडळान आयतारा धावेचो निकाल जाहीर केलो. हाचे उपरान इकरावी प्रवेश प्रक्रियेचे फाटभुंयेर तांणी हें विधान केलें. धावी पास जाल्ल्या सगळ्या विद्यार्थ्यांक मुखेलमंत्र्यांनी परबीं भेटयलीं. ११वेच्या वर्गाची प्रवेश प्रक्रिया, काल सावन सुरू जाली. विद्यार्थ्यांनी कला, विज्ञान, वाणिज्य सारक्या पारंपारीक फांट्यां वांगडाच वेवसायीक अभ्यासक्रम, आय.टी.आय वा डिप्लोमा सारक्या पर्यायांचो विचार करचो. पालकांनी आनी शिक्षकांनी विद्यार्थ्यांच्या फुडाराचो विचार करून तांचे कडेन चर्चा करची. फकत आंकडो वाडोवपा खातीर, विद्यार्थ्यांक प्रवेश दिवचो न्हय, असो सल्लो मुखेलमंत्र्यांनी शिक्षकांक दिलो.

DIP -

CERT-In एमपॅनल्ड ऑडिटिंग संस्थांची, तीन दिसांची वर्सुकीं परिशद, 'संवाद 2026', काल बिट्स पिलानीच्या के.के. बिर्ला कॅम्पसात सुरू जाली. ही परिशद 29 एप्रिल मेरेन चलतली. ह्या परिशदेत भारत आनी हेर देशांतले 500 परस चड प्रतिनिधी वाटेकर जाल्यात. “फ्युचर रेडी ऑडिट वरवीं डिजिटल भारताक सुरक्षित करप:अनुकूलीत, खात्री, प्रगती” ह्या संकल्पनेचेर आदारीत ह्या परिशदेचो उद्देश सहकार्य, नावीन्य आनी दूरदर्शी ऑडिट कार्यपद्दतीच्या माध्यमातल्यान, भारताची सायबर सुरक्षा यंत्रणां मजबूत करप हो आसा. ह्या वेळार उपस्थितांक मार्गदर्शन करतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें, की गोंयची पयली ‘सन, सॅण्ड आनी सी’ ह्या खातीर वळख आसली पुण आता गोंय राज्य सायबर सुरक्षेचे केंद्र म्हण मुखार सारता.

जाण -

गोंयच्या विद्यार्थ्यां मदीं विज्ञान, तंत्रज्ञान, अभियांत्रिकी आनी गणित विशयांत आवड निर्माण करपाक आनी तांकां अणभवात्मक शिकपाची संद दिवपा खातीर 'संवसारीक STEM आनी रोबोटिक्स ऑलिंपियाड 2026 आयोजीत केलां.

राज्य पांवडयार ही सर्त 28 जूनाक जातली. गोवा राज्य शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळान राज्यांतल्या सगळ्या शाळांक, तातूंत वांटो घेवपाचें आवाहन केलां. ह्या ऑलिंपियाडा खाला ८ ते १६ वर्सां पिराय गटां खातीर वेगवेगळयो सर्ती घडोवन हाडल्यांत. ह्या सर्तीखातीर विद्यार्थ्यांक तयार करपाक, आयोजक गोंयभर फुकट ऑनलायन आनी ऑफलायन प्रशिक्षण सत्रां घडोवन हाडटले.

गणेश -

बांदकाम खात्यात कामगार सोसायटी खाला आशिल्ल्या, कंत्राटी कर्मचाऱ्यांक सेवेत कायम करपाच्या मागणे खातीर सोसायटीचे कर्मचारी कामगार दिसा १ मे दिसा आझाद मैदानाचेर धरणें धरतले, अशी म्हायती इनटकचे अध्यक्ष अजय प्रभुगांवकार हांणी दिल्या. कामगार सोसायटीच्या कर्मचाऱ्यांनी, पणजे आल्तिनार बांदकाम खात्याच्या प्रधान मुखेल अभियंत्याक निवेदन भेटयलें. ताचे उपरान ताणी ही म्हायती दिली. ह्या निवेदनाची प्रत भौशीक बांदकाम मंत्र्याक दितले, अशी म्हायती अजय प्रभुगांवकार हांणी दिली.

सुशांत -

वास्कों हांगा सेंट फ्रांसिस झेवियराचेर टिका करपी, भाशण बरोवपाचो आरोप आशिल्ल्या गौतम खट्टराचो भाव, माधव खट्टर हाका गुन्यांव फांटो पुलिसांनी वास्को पयल्या वर्गाच्या न्यायालयांत हाजीर केलो. न्यायालयान ताका 14 दीसांची न्यायालयीन कोठी फर्मायली. मजगतीं, माधव खट्टर हाणे ह्या प्रकरणांत, जामीन अर्ज केला आनी हो अर्ज आयज, 28 एप्रीलाक वास्को न्यायालयांत, सुनावणेक येतलो. इतले मजगती, कुडचडे लैंगिक अत्याचार प्रक़रणात अटक केल्ल्या, सोहम नायक ह्या दुबावितान, पाचव्या गुन्याव प्रक़रणात अटकपूर्व जामीन मेळचो, असो मडगावच्या सत्र न्यायालयामुखार अर्ज केल्लो. तो अर्ज ताणे फाटी घेतला.

महा लोन मेळावो राजेश -

गोंय राज्य ग्रामीण राहणीमान मिशन आनी सुरभी कॉपरेटिव्ह मल्टीपर्पज क्रेडिट सोसायटी लिमिटेड हांच्या जोडपालवान, आयज मंगळवारा बायलांखातीर खासा महा लोन मेळावो जातलो. साखळी मतदारसंघातल्या नावेली ग्रामपंचायत सभाघरात, सकाळी 10 ते दनपारा 2 वरां मजगतीं हो मेळावो जातलो. या मेळाव्यात बायलांखातीर बेगोबेग कर्ज दिवप तशेच कागदपत्रां तयार करपा संबंधी मार्गदर्शन, दितले. या महा लोन मेळाव्यात, चढानचढ बायलानी वांटेकर जावन लाव घेवचो, अशें आवाहन आयोजकांनी केलां.

प्रॉस्पॅक्टस दर -

उच्च माध्यमिक शाळांच्या, प्रॉस्पॅक्टस दरांत वाड केल्ल्यान, शिक्षण संचालनालयान खर हुस्को उक्तायला. शाळेची माहिती पुस्तीका चडान चड १०० रुपया वा छपाई किंमत जी उणी आसा, ती निश्चित करची, अशें शिक्षण संचालकान मांगलां. प्रवेश फॉर्मा वांगडा दिल्ल्या प्रॉस्पॅक्टसा खातीर, राज्यांतल्या कांय शाळांनी पालकांकडल्यान चड शुल्क घेतल्या, अशी कागाळ आयल्या. हाची गंभीरतायेन दखल घेवन, शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी म्हत्वाचें परिपत्रक जारी करून, सगल्या सरकारी आनी अनुदानीत शाळांक ही सुचोवणी दिल्या.

गणेश -

वादग्रस्त ३९ ए विरोधांतल्या आंदोलना मजगतीं, नगरनियोजन मंत्री विश्वजीत राणे हांच्या घरा भायर निदर्शनां केल्ल्या प्रकरणांत, विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांकां पणजी पुलिसानी समन्स जारी केले. हे समन्साक लागून विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हाणी पणजी पोलिशीन हाजेरी लायली. पोलिसांनी तांची चवकशी केली. ह्या प्रकरणांत पुलिसांनी युरी आलेमाव आनी हेरां आड गुन्यांव नोंद केल्लो.

आयपीएल -

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं, दिल्लीच्या अरुण जेटली स्टेडियमाचेर जाल्ल्या मॅचींत, रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून, दिल्ली कॅपिटल्साक 9 विकेटींनी हारयलो. आयच्या, पंजाब किंग्स आनी राजस्थान रॉयल्स हांचे मदीं, न्यू चंडीगढांतल्या मुल्लनपूरांत सांजे 07:30 वरांचेर खेळ जातलो.

एक कळोवणी -

प्रसार भारतीन दूरदर्शन केंद्र, पणजी हांगा नैमित्तिक पदां खातिर अर्ज मागयल्यात. संपादकीय सहाय्यक, वृत्तवाचक, सीजी ऑपरेटर पदा खातीर इत्सुक उमेदवार, ३० एप्रिल मेरेन अर्ज करू शकतात.

वेदर -

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, राज्यात चडान चड तापमान 35.3 अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 28 अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.